Aakashwani Panaji National 8.40 am 4 February 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संगीतकार चंद्रिका टंडन हांका त्रिवेणी आल्बमा खातीर ग्रॅमी पुरस्कार मेळिल्ल्या खातीर परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारतीय संस्कृताये विशीं टंडन हांची आवड आनी उद्देजक, परोपकारी आनी संगीतकार म्हणून केल्ल्या कामगिरीची तोखणाय केली.

---

संसदेच्या संयुक्त बसकेंत राष्ट्रपतीच्या मार्गदर्शनाच्या अभिभाशण प्रस्तावाचेर राज्यसभेन चर्चा सुरू केल्या.चर्चा सुरू करतना भाजपा वांगडी किरण चौधरी हांणी सांगलें, शेतकारांचें उत्पन्न दुपेटीन वाडोवपा खातीर सरकारान स्मारकीय उपक्रम केल्यात. शेतकी क्षेत्रा खातीर केल्ल्या यत्नांक लागून विरोधी पक्ष सरकारा आड खोटी मोहीम हातांत घेता अशें सांगून ताचे बदला युपीए सरकारान DR स्वामीनाथन समितीच्यो शिफारशी सांठोवन दवरल्यात अशें भाजपा वांगड्यान सांगलें. शेतकारांक तांच्या उत्पादनांतल्यान चड येणावळ मेळची हे खातीर सरकारान जायते उपाय केल्यात अशें तांणी फुडें सांगलें.विरोधी पक्ष आनी कॉंग्रेसीचे फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी बेकारी, वस्तूंचे दर वाडप आनी अमेरिकन डॉलराच्या मुखार भारतीय रुपयाचें मोल देंवपाचो प्रस्न मांडलो. दर वर्सा दोन कोटी नोकऱ्यो दिवपाचें उतर सरकारान पुराय करूंक ना असो आरोप तांणी केला.हे चर्चेंत हस्तक्षेप करतना केंद्रीय मंत्री पीयूष गोयल हाणी खर्गेचे शेतकार आत्महत्या करतात ह्या आरोपाचो निषेध केलो.

---

फाल्यां जावपी 70 वांगड्यांच्या दिल्ली विधानसभेची वेंचणूकेची तयारी सुरू आसा. सकाळीं 7 ते सांजे 6 मेरेन मतदान जातलें. काल सांजे प्रचारमोहीम सोंपली. शेनवारा मतांची मेजणी जातली. दिल्लींत भाजपा, आम आदमी पार्टी आनी कॉंग्रेस हांचे मदीं वेंचणुकेंत तिहेरी सर्त दिसता. एक कोटी 56 लाखां वयर

मतदार आपलो वेंचणूक मताधिकार वापरून उमेदवारांचें नशीब थारावपाचे आसात. राष्ट्रीय राजधानींतल्या 13 हजार सातशें साठ मतदान केंद्रांनी मतदान जातलें. वेंचणुकेंत मतदारानी वांटो घेवपा खातीर वेंचणूक आयोग मतदारांक अनुकूल अशे वेगवेगळे उपाय आपणायता. मतदान अणभव सोपो आनी सरळ करपा खातीर रांक वेवस्थापन सोल्युशन, क्यूएमएस ॲप सुरू केला. मतदानाच्या दिसा सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर 35 हजारां परस चड दिल्ली पुलीस कर्मचारी, 19 हजार होमगार्ड आनी 220 CAPF कंपनींची नेमणूक करतले. विधानसभा वेंचणुके खातीर वेंचणूक आयोगान 1.8 लाखां वयर कर्मचारी नेमल्यात. आतामेरेन 220 कोटी रुपयां परस चड रोख, सोरो, ड्रग्स, फ्रीबीज, आनी मोलादीक धातू जप्त केल्ल्याची नोंद जाल्या.

---

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत जम्मू-काश्मीराच्या सुरक्षा नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. हे बसकेंत जम्मू-काश्मीराचे नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा, घर सचीव गोविंद मोहन, आनी आयबी आनी रॉ सारक्या केंद्रीय एजन्सीचे मुखेल्यांसयत हेर वडील अधिकारी हाजीर रावतले.

---

भूतानाचो राजा जिग्मे खेसर नामग्येल वांगचुक आयज महाकुंभांतल्या प्रयागराजाक भेट दितले . ते त्रिवेणी संगमांत पवित्र बुडटी घेतले . राजा काल उत्तर प्रदेशांतल्या लखनौ शारांत पावले .महाकुंभांत भक्तिभावाचें प्रदर्शन दिसून येता आनी भारतांतल्यान आनी विदेशांतल्यान कोट्यांनी भक्त आकर्शीत जाल्यात .

---

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल काश्मीराक वचपी गाडयो बेगीन सुरू जातल्यो अशें जाहीर केलें आनी जम्मू-काश्मीरांतल्या सगळ्या ट्रॅकांचेर विद्युतमय सांगलें . काल रेल्वे भवन नवी दिल्लींतल्यान आभासी पत्रकार परिशदेंत मार्गदर्शन करतना रेल्वे मंत्र्यानी कटरा-श्रीनगर रेल्वे मार्गाची सगली गरज आशिल्ली चांचणी प्रक्रिया पुराय जाल्या आनी बेगीनूच वेवसायीक कार्यावळी सुरू जातली अशें म्हळां. जम्मू रेल्वे स्टेशनाची चालू आशिलले

पुनर्विकास एकदां पुराय जातकच जम्मू आनी श्रीनगर हांचे मदीं थेट रेल्वे संपर्काची खात्री जातली अशें तांणी सांगलें. जम्मू-कठेंतल्या मुखेल रेल्वे मुळावी बांदावळ आनी उदरगत प्रकल्पांचेर मंत्री वैष्णव हांणी म्हायती दिली. तशेंच रेल्वे मुळावी बांदावळ आनी उदरगत प्रकल्पां संबंदीत केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 साच्या केंद्रशासीत प्रदेश विशिश्ट तरतुदीं विशीं म्हायती दिली.

---

शांघाय सहकार संघटनेचे सरचिटणीस Nurlan Yermekbayev आयज नवी दिल्लीत पावले. सोशल मिडियाचा एका पोस्टांत विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी , हि भेट , प्रादेशिक सहकार, सुरक्षा, वेपार आनी अर्थीक उदरगत वाडोवपा खातीर देशाची वचनबद्धताय स्पश्ट करता अशे सांगलें . Nurlan Yermekbayev भारताचा चार दिसांच्या भोंवडेर आसात .

---

संसदेच्या संयुक्त घरांनी राष्ट्रपतीच्या मार्गदर्शनाचा उपकार प्रस्तावाचेर चर्चा लोकसभेन जाली .ह्या चर्चे वेळार उलयतना काल विरोधी फुडारी आनी काँग्रेसीचे खासदार राहुल गांधी हाणी राष्ट्रपतीच्या भाशणाचेर टिका करून फाटल्या वर्सांची पुनरावृत्ती आनी सरकारी कामगिरीचीचार खर टीका केली . देशाचो फुडार तरणाट्यांचेर आदारून आसा अशें सांगून राहुल गांधी हाणी बेकारी विशीं हुस्को उक्तायलो. देशांत वाड जाली तरी बेकारी प्रस्नाचेर उपाय काडपाक सरकाराक अपेस आयलां अशें तांणी सांगलें. देशाच्या जीडीपींत उत्पादन कंपनीचो वाटो 15.3 टक्क्यांवयल्यान 12.6 टक्क्यांनी देंवला जें फाटल्या 60 वर्सांतलें सगळ्यांत उणें आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें.हाचे आदीं भाजपा खासदार रामवीर सिंग बिधुरी हांणी प्रस्ताव मांडून नरेंद्र मोदी फुडारपणा खाला आशिल्ल्या सरकारान लोक कल्याणकारी येवजण्यां सयत कामगिरीची वळेरी दिल्या. राजधानींत आयुष्मान भारत आनी प्रधानमंत्री आवास येवजण सारकिल्ल्यो केंद्रीय येवजण्यो चालीक लावपाक अपेस आयिल्ल्यान आप फुडारपणा खाला दिल्ली सरकाराचेर टीका केली .हेर खासदारांनीय हे चर्चे वेळार

हुस्को उक्तायलो. SP चे नरेश चंद्र उत्तम पटेल हांणी राष्ट्रपतीच्या मार्गदर्शनांत किमान आदार किंमत, एमएसपी गॅरंटीचो उल्लेख नाशिल्ल्याचें नदरेक हाडलें.अन्नधान्याची चलनवाड आनी शेतकी रीण माफी वगळिल्ल्यान टीएमसीचे डॉ.काकोली घोष दस्तीदार हांणी टिका केल्या.शिवसेना, यूबीटीचे अरविंद गणपत सावंत हे शेतकारांक फायदो जावपी येवजण्यां विशीं उलयले आनी शिक्षण वेवस्थेंतल्या विसंगती विशीं हुस्को उक्तायलो.

---

फाटल्या म्हयन्याच्या 31 तारखे मेरेन वापरान आशिल्ल्या 2000 रुपयांच्या नोटींचें वट्ट मोल 6,577 कोटी रुपया मेरेन देंवलां अशी म्हायती भारतीय रिझर्व्ह बँकेन दिल्या. मे 2023 वर्सा वापरान आशिल्ल्या 3.56 लाख कोटी रुपयांच्यो चलन नोटींतल्यो 98.15 टक्के नोटी वेवस्थेक परतून मेळ्ळयात अशें रिझर्व्ह बँकेन निवेदनांत स्पश्ट केलां.7 ऑक्टोबर 2023 मेरेन नागरिकांनी बँकांनी जमा करपाक वा अदलाबदल करपाक 2000 रुपयांची नोट कायदेशीर मुद्रा उरून. इंडिया पोस्टा वरवीं आरबीआयच्या 19 इशू ऑफिसांतल्या खंयच्याय कार्यालयांत अजूनय नोटी जमा करपाक वा अदलाबदल करपाक मेळटा अशें आरबीआयन लोकांक सांगला

---

शेजारच्या दोनूय देशांनी शिमेचे सुरक्षा यत्न घटमूट करपाक मान्यताय दिल्या उपरांत अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी कॅनडा आनी मेक्सिकोचेर अमेरिकेच्या दर वाडोवपाक एक म्हयनो कळाव जाहीर केला. चीनाचेर शुल्क आयज लेगीत लागू जावपाचे आसात.सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत कॅनडाचे प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हांणी ट्रम्प हांचे कडेन केल्ल्या कॉला वेळार शिमेचे सुरक्षेचेर अतिरिक्त सहकार्याचें उतर दिलां. कॅनडा आपली 1.3 अब्ज अमेरिकन डॉलराची शिमेची येवजण चालीक लायता, तातूंत नव्या हेलिकॉप्टर, तंत्रगिन्यान आनी कर्मचाऱ्यांनी शिमो घटमूट करप, अमेरिकन भागीदारांक समन्वय वाडोवप आनी बंदी आशिल्ल्या फेंटॅनील वखदाचो प्रवाह आळाबंदा हाडपा खातीर साधनां

वाडोवप हांचो आस्पाव आसा असो उल्लेख ट्रूडोन केला. मेक्सिकोचे राष्ट्राध्यक्ष Claudia Sheinbaum हांचा कडेन सकारात्मक संवाद सादलो अशें ट्रम्प हांणी उक्तायलें आनी तांणी अमेरिकेच्या मेक्सिको शिमेचेर 10 हजार सैनिकांक तैनात करपाक मान्यताय दिली.

---

राष्ट्रीय राजधानी दिल्लीत आयज सकाळ वेळात पावस पडलो. मजगतीं, भारतीय हवामान खात्यान आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात गडगडपासयत जगलां मारपचो अदमास उक्तायला. जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत अशेच तरेची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.